## कुंकळ्ळी नगरपालिका वार्ड पोटवेंचणूक वार्डातली सोरो विक्री आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश, सोरो येरादारीचेर निर्बंध

ता. 28 फेब्रुवारी 2025

दक्षीण गोंयच्या साश्ट म्हालातल्या कुंकळ्ळी नगरपालिकेचो वार्ड-10 खातीर 9 मार्च 2025 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून मतदान दीस आनी मतमेजणीच्या फांटभुंयेर पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतलीं सगळीं सोरो विक्री आस्थापनां, दुकांना, बारां ता. 8, 9 आनी 10 मार्च 2025 दिसा बंद दवरपाचो आदेश दिला. बार आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार काऊंटर बांद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

तशेंच वयल्या दिसांनी पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्या वार्डांनी खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/189

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.